राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो २६.११.२०२५ @ ६.३० PM

संविधान 120

संविधान दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संविधान निर्मात्यांक श्रद्धांजली ओपली आनी तांची नदर आनी  दूरदृष्टी दरेका नागरिकाक विकसीत भारत निर्माण करपाच्या यत्नांक  प्रेरणा दिता अशें सांगलें. संविधान मानवी प्रतिष्ठा, समानता आणि आनी स्वातंत्र्याक चड म्हत्व दिता , देशांतल्या अधिकारांसयत सक्षम करतात, दरेकल्याक नागरिक म्हूण आपलीं कर्तव्यांची  याद करून दिता आनी तीं कर्तव्यां पुराय करपाचो प्रत्येकान सदांच यत्न करचो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदि हानी म्हणला. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हानीय  ह्या वेळार देशांतल्या लोकांक शुभेच्छा दिल्यो. भारताची बुन्याद घालपी आनी राश्ट्रीय प्रवासाचे मार्गदर्शन करपा खातीरची मुल्यां नागरिकांक सोंपयिल्ल्या दूरदर्शकांची संविधान दीस सगळ्यांक याद करून दिता अशें सिंग हांणी सांगलें. संविधान दिसा निमित्त राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज नवी दिल्लीत संविधान सदनाच्या सेंट्रल हॉलत संविधानाच्या प्रस्तावनेचे वाचन केले. उपरांत उलयताना तानी म्हणले BYTE

पर्तगाल 70

श्रीसंस्थान गोकर्ण पर्तगाळ जीवनोत्तम मठाक 550 वर्सां पुराय जाल्या . हे फांटभुयेर 27 नोव्हेंबर - 7 डीसेंबर ह्या काळात वेगवेगल्या धर्मिक,समाजीक आनी सांस्कृतीक कार्यावळीचे आयोजन केला.ह्या कार्यावळी वेळार 28 नोव्हेंबराक अशिया खंडातलो सगळ्यात व्हड 77 फुटाचो भगवान रामाच्या पुतळ्याचे अनावरण जातले तशेच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकी पर्तगाळ मठाच्या  पोस्टल स्टेम्पाचे अनावरण,तशेंच केंद्रीय वित्त खात्यावतीन पर्तगाळ मठाचे चित्र आशिल्ल्या खासा नाण्याचे अनावरण जातले अशी म्हायती मठाच्या केंद्रीय समीतीचे  अध्यक्ष आनी नामनेचे गोयचे उद्देजक श्रिनिविस धेंपो हांणी दील्या.BYTE

इफ्फी १००

56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत रेड कार्पेटाचेर प्रेक्षकांच्या नेटाच्या प्रतिसादान दोन गोंयच्या चित्रपटांनी सगळ्यांचे लक्ष ओढले . वैमानिक - द पायलट ह्या सिनेमाच्या भव्य प्रीमियरांत १९६० त गोंयांत घडिल्ल्या दोन भावांची काळजाक भेद्‌पी काणी पळयली. दिग्दर्शक नीतीश पॅरिस हानी ह्या सिनेमाचें वर्णन गोंयांतल्यान संवसाराक बरयले एक उक्तें मोगाचें पत्र, जें अजूनय गोंयांकडे संबंधित अशील्ल्यो भावना प्रतिबिंबित करता अशे म्हणला. ह्या कार्यावळीक ह्या सिनेमाचे कलाकार आनी सृजनशील पंगड हाजीर आशिल्ले. मजगतीं, तरणाटो चित्रपट निर्मातो सोहम  भेंडे हाणें दिग्दर्शित केल्ल्या झीरो बल्बाक रेड कार्पेट पुरस्कार दिवन भोवमानित केलो. अर्थपूर्ण विशय आनी घटमूट कथाकथन सांगपी गोंयच्या चित्रपटांक सरकारी तेंको आनी व्यापक माची  मेळोवन दितले अशें गोवा एंटरटेनमेंट सोसायटीची उपाध्यक्ष दिलायला लोबो हांणी सांगलें.

MRO 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज तेलंगणाच्या हैदराबाद शारांत सफ्रान एअरक्राफ्ट इंजिन सर्व्हिसेस इंडिया- SAESI सुविधेचे व्हर्च्युअल पधतीन उद्‌घाटन केले. भारत हो संवसारांतल्या देशांतर्गत विमान येरादारी बाजारपेठांपैकी एक. भारत गुंतवणूक आनी नवनिर्माणाक येवकार दिता आनी उत्पादन संबंदीत प्रोत्साहन-पीएलआय येवजण्यांनी संवसारीक कंपनींक भारताक आपलें गंतव्य स्थान म्हूण वेंचून काडपाक आकर्शीत केलां अशें तांणी सांगलें. सफ्रानान स्थापन केल्ली ही नवी सुविधा भारताक जागतीक MRO केंद्र म्हूण स्थापन करपाक योगदान दितली अशें तांणी स्पश्ट केलें. BYTE

स्पोर्ट्स 40

रोमानियांत जाल्ल्या आयटीटीएफ संवसारीक युवा सर्तीत भारतीय टेबल टेनिस खेळगड्यांनी दमदार पदार्पण करून दोन पदकांमदी एक रुप्या आनी एक कांस्य पदक मेळयलें.

२0

अर्पोरा गोयात फिडे विश्वचषक बुद्धिबळ सरतीत  उझबेक ग्रांडमास्तर जावोखीर सिंदारोवान चीनच्य जी एम वी हाका हारावन २०२५ वर्षाचे विजेते पद मेलय्ले

IMD 45

भारतीय हवामान खात्यान आयज अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर गडगडपा सयत व्हड ते खूब व्हड प्रमाणत पावस पडपाचो अदमास दिला . तशेंच केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगाय  मध्यम ते व्हड प्रमाणत पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेच नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरात  दाट धुकें पातळपाची शक्यताय आसा.